# रान (संवर्धन) अधिनेम 1980 त

# प्रस्तावीत दुरुस्तीचेर

# सल्लो पत्र

पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालय

भारत सरकार

आयपी भवन

जोरबाग रोड, नवी दिल्ली

ऑक्टोबर, 2021

## A. फाटभूंय

1. रान (संवर्धन) अधिनेम, 25 ऑक्टोबर 1980 दिसा जाहीर करून त्या दिसा सावन लागू केला (हाचे उपरांत अधिनेम म्हूण उल्लेख जातलो). ह्या अधिनेमाचे प्रस्तावनेंत वर्णन केलां की, हे रानाचे संवर्धन करपा खातीर आनी तांचे कडेन जोडिल्ल्या वा संबंदीत वा त्या अनुशंगान प्रदान केल्लो अधिनेम आसा. संसदेत विधेयक सादर करतना (विधेयक क्र. 1980 चो 201) ह्या विधेयकाचो उद्देश आनी कारणांचें विवरण सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसाः

*उद्देश आनी कारणांचें विवरण*

*रानाचे नाशाडीक लागून पर्यावरणाचें असंतुलन जाता आनी पर्यावरणाचो नाश जाता. देशांत रानाचे नाशाडीक व्हडा प्रमाणान जाता आनी ते खातीर मोठ्या प्रमाणांन हुस्को निर्माण जाता.*

*2. फुडारांत रानाची नाशाडी थांबोवपा खातीर, राष्ट्रपतीन 25 ऑक्टोबर 1980 दिसा रान (संवर्धन) अध्यादेश, 1980, जारी केल्लो. अध्यादेशान आरक्षीत रानांचें आरक्षण रद्द करपा खातीर आनी रानांत नाशिल्ल्या कामां खातीर रान जमनीचो वापर करपा खातीर केंद्र सरकाराची पूर्व मान्यताय आवश्यक केल्या. अध्यादेशांत अशी मान्यताय दिवपाच्या संदर्भांत केंद्र सरकाराक सल्लो दिवंक सल्लागार समितीची स्थापना करपाची तरतूद आसा.*

*3.* विधेयक वयर दिल्ल्या अध्यादेशाक प्रस्तापीत करपाचो यत्न करता.

2. 1988 त अधिनेमांत दुरुस्ती केल्ली. 1988 तले दुरुस्ती उपरांत, तारखे प्रमाणें अधिनेमाचें स्वरूप **जोडिल्लें** आसा.

3. 12.12.1996 मेरेन, राज्य सरकार, केंद्र शासीत प्रदेश प्रशासन आनी केंद्र सरकाराच्या अधिनेमांचो तरतुदीची फकत भारतीय रान अधिनेम, 1927 वा हेर खंयच्याच स्थानीक कायद्याच्या अंतर्गत अधिसूचीत रानांक आनी रान विभागाच्या वेवस्थापन नियंत्रणा खाला रानांक लागू करताले अशी सामान्य प्रथा आशिल्ली. मानादीक सर्वोच्च न्यायालय ता. 12.12.1996 च्या निर्णया उपरांत रिट याचिका (दिवाणी) क्र. 202/1995 टी.एन. गोदावर्मन थिरुमूलपड आड युनियन ऑफ इंडिया आनी हेर, अधिनेमाच्या वेवहार्यतायेची व्याप्ती स्पश्ट केल्या, अधिनेमाच्यो तरतुदी लागू जाल्यात :

ए) मालकी, मान्यताय आनी वर्गीकरण हाची परवा करिनासना खंयचेय सरकारी नोंदींत 'रान' म्हूण नोंद केल्लीं सगळीं क्षेत्रां. हातूंत खंयच्याय कायद्या अंतर्गत रान म्हूण अधिसूचीत क्षेत्रांचो आसपाव आसा;
बी) वयल्या उप-परिच्छेद (ए) अंतर्गत आसपाव केल्ल्या क्षेत्रां अतिरिक्त हेर सगळया क्षेत्रां आनी 'रान' ह्या 'शब्दकोश' अर्थाक मानून.
सी) सर्वोच्च न्यायालयाच्या 12.12.1996 च्या आदेशा प्रमाणें आनी सोपूतपत्राच्या आदारान संगठीत तज्ञ समिती वरवीं 'रान' म्हूण वळखल्लीं सगळीं क्षेत्रां आनी ती 1997 त सर्वोच्च न्यायालयांत दाखल केल्ली.

राज्य सरकारांनी अधिनेमांतल्यो तरतुदी दरेकी राज्यांतल्या तज्ञ समितीन 'रान' म्हूण वळखल्ल्या हेर खंयच्याय क्षेत्रांत आनी रानाच्या शब्दकोश अर्था खाला आसपाव आशिल्ले जमनीक लागू करूंक सुरवात केली. राना खाला नाशिल्ले जमनीचेर लागवड करपाचेरूय हो कायदो लागू जाता अशीय ह्या आदेशाची अर्थावणी केल्ली.

4. अधिनेमाचे तरतुदीं प्रमाणें, राज्य सरकार वा केंद्र शासीत प्रदेशान खंयचीय रान जमिनीचे दिक्परिवर्तन (डायवर्जन)/ डिरिझर्वेशन वा नियुक्त करपाचो आदेश दिवचे आदीं, केंद्र सरकाराची पूर्व मंजुरी अनिवार्य आसा.

## बी. सल्लो मसतलीचे मुद्दो

सद्याच्या संदर्भांत सगळयो सरकारी रान जमनी (अधिसूचीत आसूं वा नासूं) आनी खंयचेय सरकारी नोंदींत रान म्हूण नोंद केल्लें क्षेत्र ह्या अधिनेमाचे मर्यादींत येतात. हाचे शिवाय, मालकी आनी वर्गीकरणाची परवा करिनासतना वनस्पती आशिल्ल्यो जमनी लेगीत अधिनेमांचे तरतुदींक आकर्शीत करतात, जरी ती कांय स्थानीक परिभाशीत निकशांचेर आदारीत रान मानलां. अशे जमनीची वळख कांय प्रमाणांत व्यक्तीनिश्ठ आनी अनियंत्रीत आसा. ते खातीर घुस्पागोंदळ निर्माण जाता आनी खास करून खासगी व्यक्ती आनी संस्थां कडल्यान बरीच नापसंती आनी प्रतिकार जाल्लो दिसून आयला. खंयच्याय खासगी क्षेत्राक रान मानप, एखाद्रे व्यक्तीक ताच्या स्वताचे जमनीचो कसल्याच अ-वनीकरण कार्यां खातीर वापरपाचो अधिकार प्रतिबंदीत करतले. चड वेळार जमीन वापरांत प्रस्तावीत बदल अधिनेमांचे तरतुदींतल्यान लेगीत सरकार विचारांत घेनात. जरी ती परवानगी आसल्यार लेगीत, मालकाक ताचे स्वताचे जमनीचो हेतू खातीर वापरपाक समतुल्य अ-वनीकरण जमीन आनी हेर भरपाय शुल्क आकारप गरजेचें आसा. ते खातीर चडशे खासगी जमनींक वनस्पती विरयत दवरपाचे प्रवृत्तीचो विकास जाला. हें पळोवन, कायद्याच्या वापराची व्याप्ती वस्तुनिश्ठ पद्दतीन परिभाशीत करप खूब म्हत्वाचें आसा.

2. रेल्वे,महामार्ग तशेंच हेरांच्या मार्ग अधिकार (ROW) चें बाबतींत अधिनेम लागू  करपाच्या व्याप्तेचें समजा विशीं रेल्वे मंत्रालय,रस्तो,वाहतूक आनी महामार्ग मंत्रालय आनी हेरांचेर चड नाराजी आसा. आरओडब्ल्यू हांणी 1980 आनी ताचे पयलीं रेल्वे मार्ग/रस्ते बांदपा खातीर ह्या उदरगत संघटणांनी कायदेशीर रीतीन जमीन संपादीत केल्ली अशें म्हणटात. ह्या उद्देशान जमनीच्या कांय भागाचो वापर रेल्वे मार्ग/रस्ते बांदपा खातीर केलो आनी बाकीचो तसोच फुडाराक बांधकाम/विस्तारा खातीर दवरलो. संपादीत केल्ल्या जमनीचो जो भाग रेल्वे मार्ग/रस्ते बांदी नासतना आशिल्लो त्या भागांत झाडां आनी रानां आशिल्लीं, तीं तशीच दवरलीं (1980 आनी ताचे पयलीं )आनी जंय झाडां नाशिल्लीं, थंय सरकाराच्या वेगवेगळया येवजणे खाला झाडांची लागवड केली. संपादीत जमनीर लायिल्लीं झाडां सुरक्षीत उरचीं हाची खात्री करतना, कांय प्रकरणांत ह्या झाडांक संरक्षीत रानां म्हूण अधिसुचीत केलीं. अधिनेम तयार जातकूच आनी मानादीक सर्वोच्च न्यायालयान तो लागू करपाच्या स्पश्टीकरणा उपरांत,ह्या सगळया जमनीचें अ-वनीकरकरण वापरा खातीर भारत सरकाराची पयली मंजूरी घेवप गरजेचें आसा. ह्या प्रमाणें,जमीन धारक एजन्सीक (रेल्वे,ऍनऍचऍआय,पीडब्ल्यूडी,हेर) अश्या जमनीचो वापर करपा खातीर, जी मुळांत अ-वनीकरकरणाच्या कामां खातीर संपादीत केल्ली,ह्या अधिनेमा खाला मंजुरी घेवप गरजेची आसा तशेंच वट्ट वर्तमान दर,(एनपीवी),भरपाय वनीकरण(सीए) तशेंच  हेर भरपाय कर भरप आनी हेर गजाली करच्यो पडटात. 25.10.1980 आनी ताचे पयलीं संपादीत केल्ल्या असल्या जमनीक अधिनेम कक्षेंतल्यान सूट दिवपाचो मंत्रीमंडळाचो विचार आसा.

3. (i) भारत एक उष्ण देश आशिल्ल्यान, झाडांपेडांचीं उत्फूर्तपणान वाढ जावप ही हांगासरल्या जमनीची नैसर्गीक प्रवृती. जरी ह्यो जमनी अश्योच वापरा विणें दवरल्यो जाल्यार कांय तेंपान, थंय रानां प्रमाणें झाडांझोंपाची वाढ जातली. असल्या प्रकारच्यो दुर्लक्षीत जमनी, शब्दकोशांत मानीत जमनीच्या अर्था खाला येतात. ह्या जमीनीक अधिनेमांच्यो तरतुदी लागू जातात. त्या खातीर आपल्या जमनीचेर खंयचींय झाडांझोंपाची वाढ जावची न्हय, ही सर्व सादारण लोकांची प्रवृती आसता.

(ii) राष्ट्रीय रानां धोरण,1988 तल्या देशाच्या एक- तृतीयांश क्षेत्र हें रान क्षेत्र करपाचे मोखी खातीर लागपी झाडां लागवडेच्या गरजेची गती, समाधानकारकते परस खूब पयस आसा. देशांतलें सध्याचें रान क्षेत्र हें भुगोलीक क्षेत्राच्या 24.56% आसा आनी रान क्षेत्र वाडोवपा खातीर कांय मर्यादी आसात. त्या खातीर,पर्यवरणशास्त्रीय,अर्थीक आनी पर्यावरणीय हिता

खातीर, खासगी भागीदारी मालकी हक्का खाला जमनी सयत चडांत चड अ-वनीकरकरणीय क्षेत्रां,रानां क्षेत्रां खाला हाडप गरजेचें आसा.

(iii) फुडें, देशा खातीर 2030 मेरेन अतिरिक्त 2.5 ते 3.0 अब्ज टन co2 समानक कार्बन सिंक तयार करप आनी लांकूड आनी लांकडाच्या वस्तुंचे आयाती खातीर परकी चलनाचो प्रवाह कमी करून अदमासान 45 हजार कोटी रुपया करप,राष्ट्रीय पांवड्यार निर्धारीत योगदान (NDC) ची मोख विचारांत घेवन,सरकारी रानां क्षेत्रां भायर संभाव्य उपलब्ध जमनीचेर विस्तृत लागवड आनी वनीकरण हांकां प्रोत्साहन दिवप गरजेचें आसा. पूण हें निश्चीत करपा खातीर, तांच्या खासगी/ अ-वनीकरणीय जमनींतल्यान  झाडांपेडांक वा  झाडांचे लागवडीक अधिनेमाच्यो तरतुदी लागू जावच्यो ना, ही झाडांच्या लागवड करप्यांच्या मनांतली  भिरांत पयस करप गरजेची आसा.

4. भारतांत रानांच्यो वेगवेगळयो भूंय नोंदणी मेळटात. खूब फावटीं, एकेच जमिनीचो महसूल आनी रान नोंदणींत परस्परविरोधी नोंदी मेळटात. त्या खातीर गैरसमज वा प्रकरणां वाडटात.म्हणून तांकां अधिनेम कसो लागू जाता हाचें स्पश्टीकरण गरजेचें आसा. महसूल नोंदणींत मालक आनी रानां सयत जमिनीचें स्वरूप वैधानिकपणान नमूद केल्लें आसूंक जाय. खंयच्या अ-वनीकरणीय जमनीचेर 12.12.1996 उपरांतची लागवड,वनीकरण,आनी हेरांची नोंदणी,ह्या अधिनेमा कक्षे भायर आसची आनी रानां उपक्रमांक (शेतकी वनीकरण आनी झाडां लागवड यंत्रणे सयत)प्रोत्साहन मेळचें असो विचार आसा.

5. खुबश्या रस्त्यांच्या आनी रेल्वे लायनीचे कडेक, पट्टो लागवड विकसीत केल्ली आसा आनी तीं रानां म्हूण अधिसुचीत केल्यांत.खूब कडेन अश्या जमनींचे कडेक,रस्ते/रेल्वे शेजराक सुविधा विकसीत जाल्यात. हें सुविधे मेरेन (दोनूय खासगी आनी सरकारी) पावप (रस्ते/रेल्वे) गरजेचे आसा आनी ते सदांच (रस्ते/रेल्वे) कुशीच्या अधिसुचीत रान क्षेत्राच्या पट्ट्यांतल्यान वतात. हो उपक्रम म्हणल्यार रान जमनीचे अ-वनीकरणीय वापराचो उपक्रम आसल्या कारणान,ह्या खातीर केंद्र सरकाराची परवानगी पयली घेवप गरजेची आसा.प्रत्येक प्रकरणांत रान जमनीची गरज ही सादारणपणान 0.05 हॅक्टर आसा. निवासी/वेवसाय मालकांच्यो अडचणी कमी करपा खातीर,अश्या प्रकाराच्यो प्रत्येक प्रवेश मार्गा खातीर 0.05 हॅक्टर मेरेन सूट दिवची, अशें मंत्रीमंडळाचें मत आसा.

6. अधिनेमाच्यो सद्याच्यो तरतुदी ह्यो नियामक आसून प्रतिबंधीत ना आनी अधिनेमांत अश्यो कसल्योच तरतुदी नात जांकां अ-वनीकरण क्षेत्रांक प्रतिबंधीत करपा खातीर तांचे विशेशताये आनी उंचेल्या लॅण्डस्केप एकिकृत मोला खातीर उंचेल्या दर्जाच्या संरक्षणाची आवश्यकताय आसा. ते भायर, दोन घडणुकांतल्या 40 वर्सां परस चड काळा मजगतीं, अधिनेम लागू जाल्ल्या पासून, जैवीक तशेंच पर्यावरणीय आमदनींत दखल घेवपा सारकें बदल जाल्लें आसात. सैमीक संसाधनांची जतनाय, संरक्षण आनी विकासा संबंदी धोरणां आनी सुवाळयांनी पुराय संवसारभर बदलत्या जैवीक, समाजीक आनी अर्थीक वातावरणांक फुडो करपाक परिवर्तन दाखोवपी बदलाव पळयल्यात. मंत्रालय, अशे तरेच्या गतिशील बदलावांक संबोधन करपाक, विशिश्ट कालावधी खातीर समृद्ध पर्यावरणीय मुल्ल्या दर्शोवपी कांय ठरावीक प्राचीन रानां प्रदर्शीत करपा खातीर अधिनेमांत अनुकूल तरतूद मुखार हाडपाक विचारांत घेता.

7. आमच्यो शिमो अखंड दवरूंक तशेंच देशाची सार्वभौमत्ताय उन्नत करूंक आंतरराष्ट्रीय शिमांच्या क्षेत्रां वांगडा साधन-सुविधांचो विकास हो निर्णायक थारता. अ-वनीकरणा खातीर रान जमनीचो वापर करूंक मंजुरी घेवपा खातीर दिल्ल्या सद्याच्या परिदृश्या प्रमाणें, खुबश्या वेळार, राष्ट्रीय म्हत्त्व लाभिल्ले सोयीचें तशेंच सुरक्षा प्रकल्प येवपाक कळाव लागता, जाचो परिणाम अशे तरेच्या म्हत्वपूर्ण सुवातांचेर साधन-सुविधांच्या विकासांत लुकसाण हाडटा. एकतर, अशे तरेच्या प्रकल्पांक अधिनेमाचे तरतुदीच्या अंतर्गत केंद्र सरकाराची पूर्व मंजुरी घेवपाक सूट दिवंक जाय आनी अशे तरेचे सोयीचें तशेंच सुरक्षा प्रकल्प जे दिल्ल्या वेळा भितर पुराय करप गरजेचे आसा, तांची अंमलबजावणी करूंक अ-वनीकरणा खातीर रान जमनीचो वापर करूंक परवानो दिवंक, राज्याक अनुमती दिवंक जाय.

8. मुखार अशे नदरेक आयलां की, मिनाचे भाडेपट्टीच्या गजालींनी, अधिनेमाच्या उप-विभाग 2(ii) आनी 2(iii) चे अर्जीपत्र दोनूय मेळून, जायत्या तरांनी घुसपावणी निर्माण करतात. उप-विभाग 2(iii) भाडेपट्टीचे सुपुर्दी खातीर तजवीज करता, जाल्यार उप-विभाग 2(ii) अ-वनीकरणाच्या उदेश्या खातीर रान जमनीचो वापर करूंक तजवीज करता. उप-विभाग 2(iii) अंतर्गत सद्याचे तरतुदी प्रमाणें मंजुरी खातीर, रान जमिनीची फकत ऍनपीवी देय आसा. मुखार, अशे तरेची अनुमती विचारांत घेवपाचे प्रक्रिये वेळार योग्य तत्परताये खातीर कमी वाव आसता. जाल्यार, उप-विभाग 2(ii) अंतर्गत अनुमती खातीर, निर्णय समर्थन प्रणालीचो वापर करून तशेंच नेमांनी/मार्गदर्शक तत्वांनी निर्धारीत केल्ल्या विवीध कार्यप्रणाली आनी न्यायालयाच्या कांय आदेशांक धरून प्रस्तावाची खूब तपशिलवार पारखणी आपणायल्या. रानांच्या ऍनपीवी अतिरिक्त, हेर तरेची भरपाय आकारणी जशी, वनीकरण भरपाय (सीए)

दुडू, सीए जमीन, लागवडी खातीर सुरक्षीत क्षेत्र आनी हेर देय आसात. अशे तरेन, मिनाचे भाडेपट्टीधारक उप-विभाग 2(iii) अंतर्गत अनुमती घेवंक शकतात आनी फकत ऍनपीवी रक्कम फारीक करून व्हडा प्रमाणांत रान क्षेत्राचो ताबो घेवंक शकतात. उप-विभाग 2(iii) अंतर्गत अशे तरेची अनुमती रान वटोवणी म्हूण मान्य करतले वा ना, तशेंच मानादीक सर्वोच्च न्यायालय आदेशा प्रमाणें निर्णय जाल्ली गजाल टाळपा खातीर पर्यावरण (संरक्षण) अधिनेम, 1986 अंतर्गत पर्यावरण वटोवणी मान्य आसतली, असले गजालींनी जंय उप-विभाग 2(iii)ची अनुमती घेतल्या पूण पट्टीधारकान/भाडेकारान उप-विभाग 2(ii) अंतर्गत अर्ज लेगीत करूंक ना. मुळांत, उप-विभाग 2(iii) हो भाडेपट्टी संबंदीत उद्देश्या खातीर आसा जसो, लागवड (जंय जमिनीचे वांटे वा वटोवणी करप हो उद्देश्य आसना) आनी हेर भाडेपट्टीकूय ना जाचो उद्देश्य रान जमीन नितळ करप आसा जशें की, मीन भाडेपट्टी. पूण उपरांत, मीन तशेंच हेर तरेच्या भाडेपट्टींकूय उप-विभाग 2(iii) लागूकृत करूंक सुरवात केली. ताका लागून, अधिनेमाचो उप-विभाग 2(iii) काडून उडोवपाचे प्रस्तावीत केले आनी कसलेय तरेच्या भाडेपट्टीच्या निर्धारणा खातीर उप-विभाग 2(ii) विनंती करपाक स्पश्ट करचे जाचो उद्देश्य अ-वनीकरणीय उद्देश्यां खातीर आसतलो.

9. Extended Reach Drilling (ERD), सारकी नवी तंत्रज्ञानां वयर येत आसात, जी रान जमनींतल्यान सामके खोलायेर तेल आनी नैसर्गीक गॅसाचो सोद घेवंक वा काडूंक शक्य करतात पूण ड्रिलींग होल्स रान क्षेत्राच्या भायरसून करतात तशेंच जमीन वा उदकांतल्या जिवांचेर परिणाम करी नासतना रान जमनींतल्या रानांक समर्थन करतात. अशे तरेच्या तंत्रज्ञानाचो वापर हो पर्यावरणांक अनुकूल आसा आनी ते अधिनेमाच्या कक्षाच्या भायर दवरूंक जाय अशें मंत्रालयाचें मता आसा.

10. अश्या खासगी/वयक्तीक व्यक्तींची गाराणीं सोंपीं करूंक, जांच्यो जमनी राज्य विशिश्ट खासगी रानां अधिनेमा भितर आसपावतात वा ता. 12.12.1996 च्या सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाणें रान शब्दाच्या शब्दकोश अर्थाच्या कक्षा भितर आसपावता आनी ताका अनुसरून जंय ऍफसी अधिनेम आता लागू जाता, अशे तरेच्या मालकांक प्रामाणीकपणाच्या उद्देश्यान रान संरक्षण उपाय आनी एकमेव थाकाय म्हूण 250 चौरसाचो राबित्याच्या युनिटा मेरेन संरचनेच्या बांदकामा खातीर मंजुरी दिवंक प्रस्तावीत केला.

11. अधिनेमाच्या विभाग 2त दिल्ले प्रमाणें ‘अ-वनीकरण वापर’ स्पश्टीकरणाचे कलम, अश्यो हालचाली पारखीता ज्यो अ-वनीकरण हालचाली म्हूण मानतात आनी त्यो, त्या विभागाच्या

उद्देश्या खातीर नांत. रानां आनी वन्य जिवावळीच्या संवर्धनांक अनुशंगीक/सहायक आशिल्ल्यो हालचाली ह्यो अ-वनीकरणीय हालचाली म्हूण विचारांत घेवप ना अशें समजतात. ते प्रमाणें, प्राणी संग्राहलयाची स्थापना, सफाऱ्यो, रान प्रशिक्षण साधन-सुविधा आनी हेर अधिनेमाचो उप-विभाग 2(ii) च्या उद्देश्या खातीर 'गैर-वनिकरण हालचाली' च्या अर्था भितर येवंक जायना अशें प्रस्तावीत केलां.

12. अ-वनीकरण उद्देश्यां खातीर वापरूंक दिल्ले जमनींतल्यान भरपाय वसुलीची लादणी सक्तीची आशिल्ल्यान योग्य वेळांत पुरवण करपी रान जमीन आनी परिस्थितीकीय (इकोसिस्टम) सेवा बरो फायदो करता. अशेंय दिसून आयलां की कसलेय वसुलीची दोट्टी लादणी जशे की भाडेपट्टीच्या नवीकरणा वेळार त्याच उद्देश्या खातीर तर्कनिश्ठ आसना.

13. कायद्यांत स्पश्ट दंडात्मक तरतुदी आसून लेगीत अधिनेमाचें उल्लंघन जाल्ल्याच्यो देखी आसात. अपराधाचें प्रमाण उणें करपा खातीर कायद्या प्रमाणें ख्यास्त चड कडक करप अशें मंत्रालयाचें मत आसा. ह्या संदर्भांत कलम 2 अंतर्गत अपराध आतां एका वर्सा मेरेनचे सादी बंदखणीची ख्यास्ती मेरेन दंडनीय करपाचो प्रस्ताव आसा आनी हो अपराध दखलपात्र वा अजामिनपात्र आसतलो. आदींच जाल्ल्या लुकसाणाची भरपाय करपा खातीर कलम 3 ए अंतर्गत ख्यास्ते अतिरिक्त दंडात्मक भरपायेच्यो तरतुदी सादर करपाचो प्रस्ताव आसा. तशेंच, जरी राज्य सरकार वा केंद्र शासीत प्रशासनांतलें खंयचेंय प्राधिकरण कायद्या अंतर्गत अपराधांत सामील आसलें जाल्यार दंडात्मक भरपाय म्हूण प्राप्त जावपी रक्कम राज्य CAMPA बदला राष्ट्रीय CAMPA त जमा करपाचोय प्रस्ताव आसा.

14. सर्वेक्षण आनी तपास गतिविधी ह्यो रानांच्या जमनीचेर प्रत्यक्ष अ-वनीकरण गतिविधींचो विचार वा प्रस्तावीत करचे पयलींच्यो प्रक्रिया आसात. अशा कितल्याशाच उपक्रमांनी रानांची जमीन खुबूच उण्या कालावधी खातीर वापरता आनी रानांचे जमनींत वा ताचे वयले जैवविविधतेंत कसलोच प्रत्यक्ष बदल जायना. पूण अशा उपक्रमांक वनीकरणा बगर गतिविधी मानिल्ल्यान, उपचारीक प्रक्रिये उपरांत केंद्र सरकाराची पूर्व परवानगी मागता जातूंत खरें म्हणल्यार खूब वेळ इबाड जाता. हाचेर उपाय म्हूण, खास करून, जंय अशा उपक्रमांनी प्रभाव जाणवना, थंय कायद्याच्यो तरतुदी लागू जावंक शकनात.

जोडणी

# रान (संवर्धन) अधिनेम, 1980

(1988 त केल्ले दुरुस्ती सयत)

रानांच्या संवर्धना खातीर आनी ताचे कडेन जोडिल्ल्या वा संबंदीत वा अनुशंगीक वा प्रसंगीक ह्याचे अतिरिक्त गजालीं खातीर अधिनेम.

भारतीय प्रजासत्ताकाच्या एकतिसाव्या वर्सा संसदेन तो सकयल दिल्ले प्रमाणें लागू केला : –

1. **संक्षीप्त माथाळो, विस्तार आनी आरंभ**
   (1) ह्या अधिनेमाक रान (संवर्धन) अधिनेम, 1980 म्हणूक शकतात.
   (2) जम्मू आनी काश्मीर राज्य सोडून पुराय भारतांत ताचो विस्तार जातलो.
   (3)25 ऑक्टोबर 1980 ह्या दिसा तो अंमलांत आयला अशें मानतले.
2. **रानांचें आरक्षण रद्द करप वा बिगर-रान हेतू खातीर जमनीचो वापर हाचेर निर्बंध.**
   राज्यांत सद्या लागू आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्यांत किदेंय आसलें तरी, खंयचेंच राज्य सरकार वा हेर प्राधिकरण, केंद्र सरकाराचे पूर्व मंजुरी बगर, कसलेच आदेश दिवचे नात-
   i. म्हणजे खंयचेंय आरक्षीत रान (त्या राज्यांत सद्या लागू आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्यांतल्या “आरक्षीत रान” ह्या अभिव्यक्तीच्या अर्थान) वा ताचो खंयचोच भाग, आरक्षीत करप बंद जातलें;
   ii. म्हणजे खंयचीच रान जमीन वा ताचो भाग खंयच्याय बिगर रान उद्देशा खातीर वापरूंक शकता;
   iii. म्हणजे खंयचीय रान जमीन वा ताचो कांय भाग भाडेपट्टीन वा हेर खंयच्याय खासगी व्यक्तीक वा खंयचेंय प्राधिकरण, कॉर्पोरेशन, एजन्सी वा सरकाराचे मालकीचे, वेवस्थापीत वा नियंत्रीत नाशिल्ल्या हेर खंयचेय संस्थेक दिवंक शकता;
   iv. म्हणजे खंयचीय रान जमीन वा ताचो कांय भागाचें पुनर्वनीकरण करपाच्या हेतून, तातूंत निसर्गीक रितीन रुजिल्लीं झाडां नितळ करूंक शकतात.

स्पश्टीकरण – ह्या कलमाच्या उद्देशान, “अ-वनिकरण उद्देश” म्हणल्यार खंयच्याय रानाची जमीन वा ताचो भाग वेगळो करप वा नितळ करप-

a. च्या, कॉफी,मसालो,रबर,पाम, तेल दिवपी झाडां, फलोत्पादन शेती, वा वखदी झाडांची लागवड;

b. पुनर्वनरोपणा शिवाय खंयच्याय उद्देशान;

पूण संवर्धनाच्या संबंदीत वा खंयच्याय कामाचो आसपाव हातूंत ना, रान आनी रानजिवांचो,विकास आनी वेवस्थापनाच्या अनुशंगीक,म्हणल्यार, चॅक पोस्टाची स्थापना, फायर लायन्स, वायरलेस संपर्क (बीन तारी सप्रेशण) आनी फॅनसींग बांदकाम,पूल आनी सांकव,धरण,होंडो,खंदक चिन्नां, शीमे चिन्नां, पायपलायन वा हेर उद्दिश्टां खातीर निर्माण करप.

### 3. सल्लागार समितीची स्थापना-

केंद्र सरकार अश्या व्यक्तींच्या समन्वयान समिती स्थापन करूंक शकता जातूंत सकयल दिल्ल्या संबंदान सरकाराक योग्य सल्लो दिवंक शकता.

i. कलम 2 च्या अंतर्गत मंजुरीचें अनुदान दिवप ; आनी

ii. रान संवर्धना संबंदीत हेर खंयच्याय गजालींचेर जे केंद्र सरकारा कडेन निर्दिश्ट करतले.

### 3A. अधिनेमाचे तरतुदींचें उल्लंघन केल्ल्यांक दंड -

जो कोण कलम 2 चे खंयचेय तरतुदीचे उल्लंघन करता वा ताका आदार दिता, तांकां कांय कालावधी खातीर सादारण बंदखणीची ख्यास्त जावंक शकता, जी पंदरा दिसां मेरेन वाडूंक शकता.

### 3. B. प्राधिकारिणी आनी सरकारी खात्यांनी जावपी अपराध

1) ह्या अधिनेमा अंतर्गत खंयचेय अपराध केल्ले आसल्यार-

(a)खंयच्याय सरकारी  खात्या वरवीं, खात्याचो मुखेली; वा

(b) खंयच्याय प्राधिकारिणी वरवीं, प्रत्येक व्यक्तीन, ज्या वेळार अपराध केल्लो आसा,तो थेट आरोपी थारता, आनी जबाबदार जाता,जो प्राधिकरण आनी प्राधिकारणीच्या वेवसाया खातीर तशेच प्राधिकरणा सयत;

त्या प्रमाणें अश्या अपराधा खातीर गुन्यांवकारी थारतले आनी त्या वरवीं कारवाय करून ख्यास्त मेळटली:

ह्या उप-कलमांत कांय आसपाव केल्ले नात हातूंत  आशिल्ले खात्याचे मुखेली वा पोटकलम (ब), त नमूद केल्लो खंयचोय व्यक्ती जबाबदार थारचो ना, जरी अपराध ताचे माहिती बगर केल्लो आसत जाल्यार ताणें हें सिध्द करूंक जाय वा असले अपराध आडावंक ताणें योग्य तत्परताय घेतिल्ली आसूंक जाय.

2) उप कलम (1) त किदेंय नमूद केल्लें आसलें तरी लेगीत, उपकलम (1) च्या पोटकलम (ब) च्या निर्देशा प्रमाणें जरी सरकारी खात्यांनी वा  खंयच्याय प्राधिकारणान अपराध केल्ले आसल्यार, अधिनेमा अंतर्गत दंडनीय थारतलो आनी जरी अपराध सहमतीन  वा संगनमतान केल्लो आसा, हें सिध्द जाल्लें आसल्यार, वा खात्याचे मुखेली सोडून, खंयच्याय अधिकाऱ्यान दुर्लक्ष केल्ल्याचें कारण आसल्यार, वा प्राधिकारिणीचे  बाबतींत, उपकलम (1) च्या पोटकलम (ब) त नमूद केल्ले व्यक्तीं शिवाय  हेर खंयच्याय व्यक्तीच्या, वा असल्या अधिकाऱ्याक त्या अपराधा खातीर अपराधी थारतले आनी तांच्या आड कारवाय करतले आनी त्या प्रमाणें ख्यास्त जातली.

**4.नेम तयार करूंक आशिल्ले अधिकार-**

1) केंद्र सरकार, ह्या अधिनेमाच्यो तरतुदी  कार्यान्वीत करपा खातीर नेम तयार करून राजपत्रांत अधिसुचीत करूंक शकता.

2) ह्या अधिनेमा अंतर्गत  तयार केल्ले प्रत्येक नेम हे तयार करतकूच  संसदेच्या प्रत्येक सभाघरांत  बेगीनात बेगीन मांडूक जाय,जेन्ना पर्यंत कामकाज चालू आसता, एकूण तीस दिसांच्या कालावधींत जे एक वेळाचे कामकाज वा दोन वा अदीक येशस्वी कामकाजाच्या कालावधींत, आनी जरीय, कामकाज तहकूब समाप्ती पयलीं बेगीनात बेगीन कामकाजाच्या फुडारपणान वा वयर सागिल्ल्या प्रमाणें येशस्वी कामकाज, नेमांत कसलोय फेरबदल करूंक

दोनूय घरांचें सहमत आसूंक जाय वा नेम करूंक जायना हे बाबतींत दोनूय सभाघरांची सहमती आसूंक जाय, तशेंच  नेम फकत तेन्नाच कार्यान्वीत जातले जेन्ना ते सुदारीत स्वरुपांत लागू जातले वा ते कार्यान्वीत जावंक शकना,जशी स्थिती आसा ते प्रमाणें ; तरी, तशेंच, असलो खंयचोय फेरबदल वा रद्द करप त्या नेमा अंतर्गत पयलीं केल्ल्या खंयच्याय गजालींचे वैधतायेचेर पुर्वग्रह दवरी नासतना सुदारणां करूंक शकता.

5. रद्द करप आनी जतन -

(1) 1980 त रान (संवर्धन) अध्यादेशांत, बदल केल्लो आसा.

(2) ह्या अध्यादेशाचे तरतुदींची रद्दकरण,  दुरुस्ती वा कसलीय कारवाय ह्या अधिनेमाच्या संबंदीत तरतुदी प्रमाणें करूंक शकता  वा करूंक योग्य आसा.

***

ऍफ. क्र. ऍफसी-11/61/2021-ऍफसी
भारत सरकार
पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालय
(रान संवर्धन विभाग)

इंदिरा पर्यावरण भवन,
अलिगंज, जोरबाग रोड,
नवी दिल्ली.110003
तारीख- 4 ऑक्टोबर, 2021

**शुद्धीपत्रक**

**विशय: रान (संवर्धन) अधिनेम, 1980 त प्रस्तावीत दुरुस्तीचेर टिपणी/सुचोवण्यो मागोवपाच्या संदर्भांत**

महोदय,

हांव वयर दिल्ल्या विशयाची तारीख 2.10.2021 त सम आंकडो क्रमांकाच्या ह्या मंत्रालयाच्या पत्राच्या संदर्भांत आनी त्या पत्रांत नमूद केल्ली ई-मेल आयडी fca.amendment@gov.in च्या बदला fca-amendment@gov.in म्हणून वाचपाची विनंती करता.

निशाणी/-
**(संदीप शर्मा)**
सहाय्यक म्हानिरिक्षक, रानां

सेवेक

1. अतिरिक्त मुख्य सचीव (रान)/प्रधान सचीव (रान), सगळीं राज्यां/केंद्र शासीत प्रदेश
2. पीसीसीऍफ, सगळीं राज्यां/केंद्र शासीत प्रदेश
3. प्रादेशीक अधिकारी, सगळे आयआरओऍस, ऍमओईऍफसीसी
4. सगळे संबंदीत

प्रत:

1. संचालक (तकनिकी), ऍनआयसी, मंत्रालयाच्या संकेतथळाचेर शुद्धीपत्रक अपलोड करपाचे विनंती सयत

फायल क्र. ऍफसी -11/61/2021- ऍफसी
भारत सरकार
पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालय
(रान संवर्धन विभाग)

इंदिरा पर्यावरण भवन
अलिगंज, जोगबाग

मार्ग,

नवी दिल्ली- 110003
तारीख: 8 अक्टोंबर, 2021

सेवेक,

1. अतिरिक्त मुख्य सचीव(रान)प्रधान सचीव(रान), सगळीं राज्यां/केंद्र शासीत प्रदेश.
2. पीसीसीएफ (PCCF), सगळीं राज्यां/केंद्र शासीत प्रदेश.
3. प्रादेशीक अधिकारी, सगळे आयआरओस (IRO's), ऍमओईऍफसीसी (MOEFCC)
4. सगळ्या संबंदीतांक.

विशय: **रान (संवर्धन) अधिनेम, 1980 त सुचयल्ले दुरुस्तींचेर टिप्पणी आनी सुचोवण्यो मागोवंक कालावधी वाडोवपा- संबंदी**

महोदया/ महोदय,

तारीख 02.10.2021 च्या समसंख्यांचे पत्रांचो संदर्भ घेवपाचे निर्देश म्हाका ह्या मंत्रालया वरवीं दिल्यात, जातूंत 15 दिसांच्या कालावधी भितर रान (संवर्धन) अधिनेम 1980 त सुचयल्ले दुरुस्तींचेर टिप्पणी आनी सुचोवण्यो (www.parivesh.nic.in/ www.moef.nic.in ह्या मंत्रालयाच्या संकेथळाचेर आमंत्रीत केल्यात.

ह्या संबंदान, विभिन्न स्तरावयल्यान प्राप्त जाल्ल्या सुचोवण्यांचेर आदारीत, अशें कळीत करता की, टिप्पणी प्राप्त कपाचो कालावधी आनीक 15 दिसांनी वाडोवपाचो थारायला (म्हणजे 01.11.2021 मेरेन).

त्या खातीर सगळ्या संबंदीतांनी, आपल्यो टिपण्यो/सुचोवण्यो, मंत्रालयाच्या संकेतथळाचेर (Website) (www.parivesh.nic.in/www.moef.nic.in) चेर आशिल्ल्या सल्लो पेपरा वरवीं fca-amendment@gov.in चेर ईमेली मार्फत 01.11.2021 मेरेन वा ताचे पयलीं दाखल करच्यो. 02.10.2021 तारखेचें समसंख्यांक पत्र हें वयर उल्लेख केल्ल्या प्रमाणें फेरबदल केलां

मंत्रालयाच्या सक्षम प्राधिकारीणीचे मान्यतायेत हें जारी केलां.

तुमचो विश्वासू
(संदीप शर्मा)
सहाय्यक रान महानिरिक्षक

प्रति,

संचालक (तंकनिकी), ऍनआयसी मंत्रालयाच्या संकेतथळाचेर पेपर अपलोड करपाचे विनंती सयत.